## मुख्यमंत्र्याकडल्यान  गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं

ता. 18 डिसेंबर  2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी  गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्र्यान गोंय मुक्ती खातीर त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांच्या उगडासाक आर्गां ओपून राज्य सरकार स्वातंत्र्य, अभिमान आनी एकात्मतेची मुल्यां सांबाळून दवरपाक कटीबद्द आशिल्ल्याचें म्हणला.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय मुक्ती दीस हो न्हय फकत स्वातंत्र्या खातीर केल्ल्या आमच्या इतिहासीक चळवळीच्या उगडासाचो दीस, जाल्यार गोंयान मानवी प्रयत्नांच्या मळार केल्ली उदरगत, सलोखो आनी सांस्कृतीक दायजाचो उत्सव आसा. गोंयच्या प्रत्येक नागरिकान राज्याचो विकास आनी भरभराटी खातीर योगदान दिवन आपले दायज आनी परंपरा सांबाळून दवरपाचो उलो मुख्यमंत्र्यान मारला.

गोंयच्या लोकांनी राज्याच्या शाश्वत विकासा खातीर योगदान दिवन गोंयांक स्वयंपूर्ण राज्य करपाच्या सरकारच्या प्रयत्नांक हातभार लावपचोय  उलो, मुख्यमंत्र्यान मारला.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/967

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.